


# इम्मानुएलाचें सपन

## इम्मानुएल ओफोसू येबोआ हाची वास्तवीक काणी

लौरी एना थोम्पसन,

चित्र : सीन कुयालिस

# घाना

# इम्मानुएलाचें सपन

इम्मानुएल ओफोसू येबोआ
हाची वास्तवीक काणी

लौरी एना थोम्पसन,

चित्र : सीन कुयालिस

कोंकणी अणकार – गंधाली भट




अक्रा



पश्चीम आफ्रिकेच्या घाना प्रांतांत एका भुरग्याचो जल्म जालो.

जल्माक येतनाच ताच्या दोळ्यांत तेज आसलें,
ताच्या फुफुसांतल्यान रडपाचो आवाज येतालो,
हाताचे तळवे बंद - उकते जाताले आनी
एकाच पांयाची हालचाल जाताली.



चडश्यांक तो कांयच कामाचो ना असो दिसलो आनी
थोड्यांक तो एक शाप दिसलो.
भुरग्याचो बापूय तांकां कायमचो सोडून गेलो.
पूण ताचे आवयक विश्वास आशिल्लो.
तिचें नांव कम्फर्ट,
तिणें ह्या भुरग्याचें नांव इम्मानुएल दवरलें,
म्हणल्यार 'देव आमच्या सांगाता आसा.'





ल्हव ल्हव करून इम्मानुएल व्हड जालो.
मम्मा कम्फर्टान ताका सांगलें, संवसारांतली
जाय ती गजाल तुका मेळपाक शकता,
पूण ती तुवें कमोवची पडटली.





तो सरकटपाक आनी उडक्यो मारूंक शिकलो.




उदक हाडूंक आनी माडाचेर चडूंक शिकलो.



पयशे जोडूंक तो बुटाक पॉलीश करूंक शिकलो.





दिव्यांगत्व आशिल्लीं चडशीं भुरगीं शाळेंत गेलीं नात. पूण तरी ताची आवय इम्मानुएलाक हांडीर मारून शाळेंत व्हरताली.

पूण एक दीस आवयन इम्मानुएलाक म्हणलें, "पुता आतां तूं व्हड जाला आनी जड लागूंक लागला."



त्या दिसाच्यान इम्मानुएल लंगडत लंगडत शाळेंत वचूंक लागलो. घरा कडल्यान शाळा दोन किलो मीटर पयस आसली.





शाळेंत पयलीं ताच्या वांगडा कोणूच खेळ नाशिल्लो.

इम्मानुएलान पयशे कमोवन वाटोवंक लागलो आनी ताच्या वर्गांतल्या कोणा कडेनच नाशिल्ली अशी एक वस्त घेतली. ताणें एक फुटबॉल घेतलो.

“म्हाका खेळपाक घेतल्यार हांव तो तुमकां दितलों,” ताणें म्हणलें.

ताचे आजयेन दिल्ल्या कुबड्यांच्या आदारान तो फुटबॉल खेळूंक लागलो. एका पांयार फुटबॉलाचेर किक मारूंक लागलो. इम्मानुएलान तांचो रिस्पेत जोडिल्लो.








ताचे नवे इश्ट केन्ना केन्ना खावपाक दिल्ल्या पयशान सायकल भाड्याक घेताले.
इम्मानुएलाक सायकल चलोवंक जातली काय?
ताचो इश्ट गॉडविनान ताचे सायकलीक नेटान धुकल्लो म्हणल्यार ताका तोल सांबाळूंक मेळटले.



इम्मानुएल परत परत पडलो... आनी निमाणे...



तो सायकल चलोवंक शिकलो.


इम्मानुएल जेन्ना तेरा वर्सांचो आसलो तेन्ना
ताची आवय खूब बरी ना जाली.
ती बाजारांत भाजी विकपाक शकना जाली,
आनी इम्मानुएलाची भयण आनी भाव कामाक वचूंक खूब ल्हान आसलीं.






इम्मानुएलाकूच तांकां आदार दिवपाक जाय आसलो.
मम्मीची इत्सा नासून लेगीत इम्मानुएल घरांतल्यान भायर सरलो आनी अक्रा शारांत वचपी रातीची रेलगाडी ताणें धरली.
सुमार देडशे मैल पयस हें शार आशिल्ले, आनी त्या शारांत तो एकलो.
तेन्ना ताका कांयच खबर नासले पूण
तो दोन वर्सां उपरांत आपल्या फामिलीक मेळ्ळो.

इम्मानुएल शारांत जबर इत्सा घेवन पावलो.
शारांत कितलेशेच लोक.
पूण ताका कोणेच काम दिवंक ना.




हेर दिव्यांगा वरी भीक मागपाचो सल्लो ताका
दुकानवाल्यांनी आनी हॉटेलवाल्यांनी दिलो.
पूण इम्माएनुलाक तें पटूंक ना.
निमाणे, खाणाच्या एका दुकानवाल्यान ताका कामाक दवरलो
आनी रावपाक सुवात दिली.





जेन्ना इम्मानुएल कामार थंड पेय विकिनासलो
तेन्ना तो बूट बॉलीश करतालो.
तो पयशे कमयतालो
आनी घरा धाडटालो.


एक दीस जेन्ना इम्मानुएल बूट पॉलीश करपाचें सामान
विकत घेवंक गेलो तेन्ना दुकान मालकान
तो भिकारी समजून ताका तापयलो.
अपमानीत जाल्ल्या इम्मानुएलान कावंटराचेर
पयशे दवरले.
दुकानदाराक आपली चूक कळ्ळी आनी
ताणें माफी मागली.
पूण इम्मानुएल हो अपमान केन्नाच विकसूंक ना.



जेन्ना मम्मी कम्फर्टाची भलायकी चड इबाडली
तेन्ना इम्मानुएल घरा परतलो आनी तिची जतनाय घेवंक लागलो.
नातालाचे आदले राती, खाटयेर न्हिदिल्ले मम्मीन ताका म्हणलें,
“दुसऱ्यांक सन्मान दी, तुज्या घरच्यांची जतनाय घे,
केन्नाच भीक मागूं नाका, आनी केन्नाच हार मानिनाका.”

दुसऱ्या दिसा सकाळीं,
ताची मोगाळ आवय भायर पडली.

इम्मानुएलाक खूब दुख्ख जालें,
पूण आवयचीं निमाणीं उतरां
ताचें खातीर वरदान आशिल्लें.
दिव्यांग आसप म्हणल्यार असमर्थ आसप न्हय
हें जगाक दाखोवन तो
तिच्या उतराचो आदर करतलो.
हें खूब मोटें सपन आशिल्लें,
पूण ताणें एक येवजण आंखिल्ली.











इम्मानुएल खूब हुशार आशिल्लो.
खूब धाडशी,
आनी एक घटमूट पांय.

ताका फकत एक सायकल जाय आशिल्ली.

सुरवातेक कोणेच ताका मदत करूंक ना.
घाना भोंवतणीं सायकलीन यात्रा करप म्हणप अशक्य
अशें तांकां दिसताले.

इम्मानुएलान कॅलिफोर्नियांतल्या सैन दिएगोच्या
चॅलेंज्ड एथलीट्स फावंडेशनाक (दिव्यांग संस्था) बरयलें.



तांणी इम्मानुएलाक एक बायक धाडली.

तेच बरोबर एक हॅल्मेट, कपडे, सॉक्स आनी ग्लोव्ज धाडले.




इम्मानुएल लांब प्रवासा खातीर तयारी करूंक लागलो.
आपल्या वाठारांतल्या राजाक मेळून ताणें ताचो आशिर्वाद घेतलो.


उपरांत तो घरा-घरांत वचून सहकार्य मागूंक लागलो.

निमाणे, ताणें एक भाड्याची टॅक्सी केली जातूंत पिवपाचें उदक, एक कॅमेरा, आनी ताचे लागींचे इश्ट आशिल्ले.

इम्मानुएलान आपलो दावो पांय सायकलीचे फ्रेमीक बांदलो, उजवो पांय सायकलीच्या पेडलांत घालो आनी सायकल चलोवंक लागलो.




इम्मानुएलान गजबजिल्ल्या अक्रा शारांत सायकल चलयली.
हरीत जंगलांत तो गेलो,
मोट्या दोंगरांचेर सायकल चलयली,
लांब न्हंयो पार केल्यो.
तो ओडुम रानांत आनी केळयाच्या शेतांतल्यान सायकलीन गेलो
आनी कुमासी शारांतल्या मोट्या बाजारांत तो पावलो.
हायवेचेर व्हडले व्हडले ट्रक चलताले,
तांच्या लागींच्यान तो गेलो,
दाट जंगलांत ताका जनावरांचो उगडास जालो.
तो तणाच्या विशाल मैदाना कडल्यान गेलो,
आनी तमाले ह्या प्राचीन शारांत पावलो.
आपल्या देशांत तो वयर-सकयल, भोंवतणी फिरलो,
आनी ताणें आपल्या देशाचो नकासो शर्टाचेर
अभिमानान घातिल्लो.
ताच्या शर्टाचेर “पोजो”
म्हणल्यार दिव्यांग व्यक्ती
अशेंय बरयल्ले.





THE
PUZO

सायकलींत भोंवडी करतना तो दिव्यांग व्यक्तीं कडेन उलयलो, तशेंच हेरां कडेनूय तो उलयलो.
गरीब शेतकार ते गिरेस्त जमीन मालक आनी धर्मीक फुडारी, सरकारी अधिकारी आनी रिपोर्टरां कडेन तो उलयलो.




सगळ्यांनी ताका आनी ताचें दिव्यांगत्व पळोवचें
अशें इम्मानुएलाक दिसताले.
सगळ्यांनी ताका आनी ताचो संदेश आयकुचो
अशें ताका दिसताले.



इम्मानुएल जितलो पयस गेलो
तितली नामना ताका मेळ्ळी.
भुरगीं ताचे खातीर ताळयो मारूंक लागलीं.
दिव्यांगत्व नाशिल्ल्या लोकांनी ताका वांगड दिलो.
कांय जाण तर पयलेच फावट भायर सरले.
एका तेंपार शाप म्हूण समजिल्लो हो भुरगो
आतां राष्ट्रीय हिरो जावपाक लागिल्लो.





इम्मानुएलान ही उगडासाक उरपी भोंवडी, दक्षिणेक दर्या मेरेन ते
अक्रा परत येवपा मेरेन सायकलींत पॅडलां मारून,
म्हणल्यार सुमार चारशे मैलांचो प्रवास,
फकत धा दिसांनी पुराय केलो.



पूण इम्मानुएलाचें येस ताचे पलतडीं पावलें.
एका पांयान लेगीत श्रेश्ठ कामां करूं येता हें ताणें सिद्ध केलें.
आनी संवसार बदलूंक एक मनीस पुरो हेवूय ताणें दाखोवन दिले.

“ह्या संवसारांत कोणूच पूर्णत्वाक पाविल्लो ना. पूण आमी आमच्या जाता तितलें काम करूंक शकतात.”

- इम्मानुएल


# लेखक के दो शब्द

इम्मानुएलान अजून यत्न करप सोडूंक ना. 2001 वर्सा, चौवीस वर्सांचो आसतना घानाची लांब सायकल भोंवडी पुराय केल्या उपरांत ताणें म्हत्वपूर्ण एथलेटीक सर्तींनी वांटो घेतला आनी नायके आनी ईएसपीएन हांचे पुरस्कार ताका फावो जाल्यात. 2004 वर्सा इजिप्तांतल्या कायरो शारांत ताका ऑलिम्पिक टॉर्च व्हरपाचो मान मेळ्ळो. ताच्या जिविताचेर आदारीत “इम्मानुएलस गिफ्ट” ह्या एका लघुपटांत ताणें काम केलां आनी ‘द ओप्रा विनफ्रे शो’ हातूंतय ताची मुलाखत घेतल्या.

2006 वर्सा, इम्मानुएलाची सायकल यात्रा आनी राजनितीक संघर्शाक लागून, घानाचे संसदेंत दिव्यांगत्व आशिल्ली व्यक्ती अधिनेम सम्मत जालो. ह्या अधिनेमा प्रमाण, देशांतल्या हेर नागरिकां वरीच दिव्यांग व्यक्तींक अधिकार मेळटात. “हांव म्हज्या दिव्यांग भाव आनी भयणीं खातीर खोशी आसा पूण ही फकत सुरवात,” अशें इम्मानुएलान म्हणलें.

आयज इम्मानुएल दिव्यांगा खातीर वावर करीत आसा. शाळेंत वचपाक सोदपी दिव्यांग भुरग्यां खातीर ताणें शिश्यवृत्ती सुरू केल्या तशेंच गरज आशिल्ल्यांक तो व्हिलचॅर दिवन मदत करता. ताचे सयत, दिव्यांग व्यक्तींच्या हक्कांचे संरक्षणा खातीर तो घाना सरकारा वांगडा काम करता तशेंच दिव्यांग म्हणल्यार असमर्थ आसप न्हय हो संदेश दिवंक तो राजकी फुडारी, स्वतंत्र संस्था आनी शाळेंतल्या भुरग्यां वांगडा तो नेमान उलयता.

इम्मानुएल आनी ताच्या वावरा विशीं अदीक जाणून घेवंक तशेंच दिव्यांगत्व आशिल्ल्या आनी नाशिल्ल्या भुरग्यां खातीर तो बांदता ते शाळे विशीं माहिती मेळोवंक EmmanuelsDream.org ह्या इम्मानुएल एज्युकेशन फावंडेशन एण्ड स्पोर्टस एकॅडेमी



एक व्यक्ती

जग बदलूंक शकता.